## 19 फेब्रुवारीक फर्मागुडयेर छत्रपती शिवाजी महाराज जयंती सुवाळो

ता. 13 फेब्रुवारी 2020

राज्य पातळीवयलो छत्रपती शिवाजी महाराज जयंती सुवाळो ता. 19 फेब्रुवारी 2020 दिसा फर्मागुडी-फोंडा हांगाच्या श्री गणपती देवस्थानच्या प्राकारात मनयतले. म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन ग्रामपंचायत, बांदोडा आनी जिल्हा पंचायत वांगडी, कवळे हांच्या सहकार्यान आयोजीत करपात येवपी सुवाळ्यात मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत गोंयच्या जनतेवतीन छत्रपती शिवाजी महाराजांच्या उगडासाक आर्गां ओपतले.

कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे, आमदार श्री. रामकृष्ण (सुदीन) ढवळीकर, श्री. रवी नाईक, श्री. सुभाष शिरोडकर, जिल्हा पंचायत वांगडी श्रीमती चित्रा फडते, बांदोडेचे सरपंच श्री. रामचंद्र नाईक, म्हायती आनी प्रसिध्दी सचिव श्री. संजय कुमार आनी हेर मानेस्तय सुवाळ्याक उपस्थित आसतले.

पुणेंचे इतिहासकार डॉ. पद्माकर गोरे हांचे छत्रपती शिवाजी महाराजांची जीण आनी कार्याचेर भाशण जातले.

सकाळी 8.45 वरांचेर कार्यक्रमाक सुरवात जातली. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे, आमदार श्री. रामकृष्ण (सुदीन) ढवळीकर, श्री. रवी नाईक, श्री. सुभाष शिरोडकर, जिल्हा पंचायत वांगडी श्रीमती चित्रा फडते, बांदोडेचे सरपंच श्री. रामचंद्र नाईक, म्हायती आनी प्रसिध्दी सचिव श्री. संजय कुमार आनी हेर मानेस्त छत्रपती शिवाजी महाराजांच्या पुतळ्याक फुलांहार घालून आर्गां ओपतले.

उपरांत बाल भवनची भुरगीं पोवाडें सादर करतली. शिरोडेचें महिला पथक धोलताशांचें वादन करतले.

छत्रपती शिवाजी महाराज जयंती निमतान राज्य सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन छत्रपती शिवाजी महाराजांच्या जीणेचेर हायस्कुल आनी उच्च माध्यमिक विद्यार्थ्यांखातीर अखिल गोंय नाट्य प्रवेश सर्त आनी आंतर महाविद्यालयीन प्रस्नमंजूशा सर्तीचे आयोजन करपात आयला. ह्या सर्तीत वाटो घेवपी शाळांच्या जैतवंत पंगडांक पयले 10 हजार, दुसरे 7 हजार आनी तीसरे 5 हजार रूपया अशी तीन रोख इनामां आनी प्रशस्तीपत्र भेटयतले. आंतर महाविद्यालयीन प्रस्नमंजूशा सर्तीच्या जैतवंतांक पयले रोख 3 हजार, दुसरे 2 हजार आनी तीसरे 1 हजार रूपया आनी प्रशस्तीपत्र भेटयतले.

तशेंच राज्यात ता. 18 ते 21 फेब्रुवारी मेरेन आठ वेगवेगळ्या सुवातांचेर नाटकांचे प्रयोग जातले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/139

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA